# Panaji regional news 28 June 2025, 7.20

## राजभवन येवजण

गरीब आनी बेवारस लोकां खातीर जेवणाची सोय करपी संस्था खातीर राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हे राजभवन अन्नदान येवजण सुरू करतले. हे येवजणे खातीर राज्यपाल आपलो स्वता:चो निधी दितले. केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी हे येवजणेचे फाल्यां आयतारा उक्तावण जातलें.आयतारा सकाळीं राजभवन पोरण्या दरबार हॉलात राजभवन अन्नदान येवजणेचो शुभारंभ जातलो. जे मानधन राज्यपालान बरयल्ले पुस्तकांतल्यान आयल्यात त्या मानधनाचो वापर हे येवजणे खातीर करतले. राज्यपाल पिल्लय कार्यवळीचे अध्यक्षस्थानार आसतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी धनादेशाचें वांटप जातले. उपरांत राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी राजभवन अन्नदान येवजणेचें उक्तावण जातलें. हे येवजणे खाला स्ट्रीट प्रोव्हीडन्स हे संस्थेक पयलो धनादेश केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी भेटयतले.

## मुखेलमंत्री

खाजगी क्षेत्रांत काम करपी बायलांक बस तिकीटीचेंर 50 टक्के सवलत दिवपाच्या प्रस्तावाचेर गोंय सरकार विचार करता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली. दिसपट्टो येरादारीचो खर्च उणो करून खाजगी क्षेत्रांत नोकरी करपाक चड बायलांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान हो प्रस्ताव विचाराधान आसा अशें तांणी सांगलें. साकळे रवींद्र भवनात आयोजित म्हाजी बस येवजण 2025 & इंधन अनुदान वितरण सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

ह्यावेळार येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो, कंदब म्हामंडलाचे अध्यक्ष उल्हास नायक तुयेकार, येरादारी खात्याचे सचिव संजय गोंयल तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्यानफुडे डीजीटल माध्यमाचो उपेग करुन प्रवासी बसीची तिकीट दींवक शकतले. म्हजी बस येवजणेवरवी भैशिक येरादारी सेवा सुटसुटीत जातली, तशेंच गाडयाचो कमी उपेग जातलो अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हळा. खासगी बस मालकांनी म्हजी बस येवजणेचो लाव घेतलो जाल्यार तांका नवी बस घेवपाक १० लाख रुपयाची मजत सरकार दितले. हे शिवाय इंधन सवलत सरकारा दितले. खासगी बसी आनी कदंबा म्हामंडळाच्या

जोडपालवान प्रवाशांक बरी भौशिक येरादारी सुविदा दिवपाच्या  हेतान सरकार काम करता अशें मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

## नशामुक्ती कार्यावळ cm

तंबाखु, चरस, गांजा, सिगरेट, सोरो ही व्यसना भलायकी इबाडपी तशेचं जीवाक धोको तयार करपी व्यसना, ताका लागुन हया व्यसनापासत स्वतक  पयस दवरप  महत्वाचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. तशेंच अंधश्रध्देचेर  विस्वास दवरुन बाबा-बुवांकडे वचच्या परस अशे व्यसन आसत जाल्यात दोतोराकडे वचुन उपचार घेवन ते सोडवचे अशे आवाहन ह्यावेलार मुखेलमंत्र्यान केला.

गोंय भलायकी खात्यावतीन आयज साखळे  साई नर्सिंग संस्थेच्या सभाघरात नशामुक्ती कार्यावळ योजित केल्ली. त्यावेळार ते मुखेल सोयरे  म्हण उलयताले. ह्यावेळार  दोतोर राजेश धुमे, दोतोर  अतुल पै वीर, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.ह्या वेळार हाजीर आशिल्लाय दोतोरांनी नशामुक्ती कशी करु येता हे विंशी सभाघरात हाजीर आशिल्लया मनशांक मार्गदर्शन केले. नशेपासत पायस रावात , स्वतची भलायकी घटमुट दवरात असो सल्लो  दोतोरांनी ह्यावेळार दिला.

## स्वरवर्षाव

केरी - फोंडेंच्या श्री विजयादुर्गा देवस्थानात फाल्यां म्हळयार ९ जुलैक एका दिसाचें स्वरवर्षाव संगीत संमेलन आयोजित केलां. श्री विजयादुर्गा देवस्थान , श्री विजयादुर्गा सांस्कृतिक मंडळ हांणी कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या पालवान हें संमेलन घडोवन हाडलां. फाल्यां सकाळी साडेणव वरांचेर संस्कार भारतीचे कोंकण प्रांत संघटन मंत्री उदय शेवडे हांच्या हस्तुकी ह्या संमेलनाचे उक्तावण जातलें. वडील भजनी कलाकार बाबुराव भांडीये हांचो ह्या वेळार भोवमान जातलो. पयल्या सत्रांत सकाळी धा वरांचेर सावली गांवकर - गायन , तनय सहकारी - तबला सोलो , मैथिली आमशेकर - व्हायोलिन वादन आनी सम्राज्ञी शेलार हांचे गायन जातले.

सांजे ४ वरांचेर सुरू जावपी दुसऱ्या आनी निमण्या सत्रांत गोवा संगीत महाविद्यालयाचे विद्यार्थी ' लयबंध ' ही कार्यावळ सादर करतले उपरांत नरेश मडगांवकर हांचे संतूर वादन जातले. किशोरीताई आमोणकर हांची शिष्या विदुषी विद्या भागवत हांच्या गायनान ९व्या स्वरवर्षाव संगीत संमेलनाचो समारोप जातलो.

## आमदार विजय सरदेसाय

शेतवडीक अर्थवेवस्थे कडेन जोडप म्हत्वाचें आसा अशें फातोर्डाचे आमदार विजय सरदेसाय हांणी सांगलें. तरणाट्यांनी शेतवडी कडेन वळपाची व्हड गरज आसा . अर्थवेवस्थेचो सरळ संबंद शेतवडी कडेन आसा आनी तरणाट्यांक आकर्शीत करपाचे आसल्यार शेतवडीचो अर्थवेवस्थे कडेन जोडप म्हत्वाचें अशें तांणी सांगलें. गोंयांत सुमार 18 कोटी चौखण मिटर जमीन पाडांग पडल्या आनी सरकारान ताची लागवड सकयल देंवोवपाचो यत्न करचो, अशें तांणी सांगलें. भुरगेपणांतल्या वर्गांतल्यान पाठ्यपुस्तकांत शेतकी अभ्यासक्रमांचो आस्पाव करपाची गरज आसा. पुरोगामी शेतकार नव्या पद्दतीचेर भर दितात, जाल्यार सरकारान कृशी पर्यटन सारक्या प्रकारांची सुरवात करपाची गरज आसा अशेंय तांणी सांगलें. गोयात शेतकी वेवसायाक पूरक अशें वातावरण आनी जमीन उपलब्ध आसा, अशें तांणी सांगलें. तशेंच तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून शेतकी मळार आमूलाग्र बदल घडोवन हाडपाची तांक तरणाट्यां कडेन आशिल्ल्यान तरणाट्यांक शेतकी मळार आकर्शीत जावप खूब गरजेचें अशें तांणी सांगलें. बोरींतल्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयान आयोजीत केल्ल्या शेतकी महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळयाक ते मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. ह्या संदर्भार पद्मश्री पुरस्कृत संजय पाटील, गोंय जैव विविधताय म्हामंडळाचे वांगडी सचीव डॉ.प्रदीप सरमोकादम, महाविद्यालयाचे प्राचार्य अच्युत पेडणेकर, विवेकानंद शिक्षण संस्थाचे अध्यक्ष प्रकाश प्रभु, वेवस्थापक मीनानाथ उपाध्याय, बोरीचे सरपंच जयेश नायक, ग्रीन आर्मीचे अध्यक्ष बोरी मनोज गांवकार, बोरी बायोडायव्हर्सिटी व्यवस्थापनाचे अध्यक्ष अभय केसरकार, शिवराम गांवकार, विवेकानंद महाविद्यालयाचे संयोजक विनोद कामत, विवेकानंद विद्यालय प्राचार्य कल्पना बेहेरे, विवेकानंद मुळाव्या शाळेची प्राचार्य कविता वास्त आनी हेर मानेस्त खासा आमंत्रित म्हणून हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना संजय पाटील हांणी सांगलें, गोंय वाणिज्य म्हाविद्यालयान हो उपक्रम हेर म्हाविद्यालयां खातीर आदर्श थारला आनी असो महोत्सव सगळेकडेन आयोजीत करप गरजेचें आसा. शेती ही तपस्या आनी शेतकारांनी शेतकी नवनिर्माणाचो प्रयोग करून सैमीक शेतीचेर लक्ष केंद्रीत करचें अशें तांणी सांगलें. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या शेतकारांक शेतवडी विशीं खूब गिन्यान आसा आनी हें गिन्यान पुस्तकांत रुपांतरीत करून शेतकारांनी वेवसायीक रितीन शेती करपाचो यत्न करचो अशें आवाहन डॉ.प्रदीप सर मुकादम हांणी केलें. ह्या कार्यावळीक अच्युत पेडणेकारान येवकार दिलो आनी

मीनानाथ उपाध्ये हांणी प्रस्तावीत केलो. ह्या निमतान हाजीर आशिल्ल्या नागरिकांक रोपां वांटली. उपरांत कार्यावळींत शेतवडी विशीं म्हायती दिवपी आनी शेतकी यंत्रणा आनी बियो दिवपी जायत्या स्टॉलांचें प्रदर्शन उक्तावण जालें. विवेकानंद वाणिज्य महाविद्यालयाची ग्रंथपाल सोनिया देसाय हांणी पुराय कार्यावळीचें संयोजन केलें.

## आयटी खात्याचे मंत्री रोहन

गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्यान ग्रामीण मित्र येवजणे वरवीं  गोंयच्या गावगिऱ्या वाठारातल्या २५ हजार  नागरीकामेरेन गोंय सारकारच्यो  सुविधा, सवलती, तशेंच  येवजण्यो पावयल्यात .गरजेच्यो भौशीक सेवा थेट नागरिकांच्या घरांत पावपाक लागल्यात. ह्या उपक्रमाक लागून ज्येश्ठ नागरिकांक, बायलांक, विद्यार्थ्यांक येरादारीच्या त्रासा बगर म्हत्वाचे कागदपत्र मेळोवप आनी सरकारी येवजण्यांचे अर्ज मेळोवन ते सादर करपाक सोंपें जालां.

पयसुल्ल्या आनी गांवगिऱ्या वाठारांनी लक्ष केंद्रीत करून ग्रामीण मित्र येवजणे गांवगिऱ्या गोंयांतल्या समाजीक आनी अर्थीक उदरगतींत डिजिटल माध्यमाच्य नदरेतल्यान महत्वाचे योगदान दिता शे आयटी खात्याचे मंत्री रोहन कंवटे हांणी म्हणला.

## लॅपटॉप येवजण

.इन्फो टेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा लिमिटेड (आयटीजी) हांणी 2024-2025 शिक्षणीक वर्सा खाला अनुसूचित जाती आनी अनुसूचित जनजाति समुदायांतल्या 20 पात्र विद्यार्थ्यांक फुकट लॅपटॉप दिवपाची येवजण जाहीर केल्या. ह्या उपक्रमाक अनुसुचीत जमात (एसटी) समुदायांतल्या 10 विद्यार्थ्यांक (5 चले आनी 5 चलयो) आनी धावी वर्गांत शिकपी अनुसुचीत जाती (एससी) समाजांतल्या 10 विद्यार्थ्यांक (5 चले आनी 5 चलयो) फायदो जातलो.पात्र विद्यार्थ्यांनी infotech.goa.gov.in ह्या संकेतथळार ऑनलायन अर्ज करूं येता.